गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्रमांक .10 वर्स 2026

09.10.2026 दिसा प्रकाशीत जाल्या

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23.10.2026 आसा.

फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांची अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23.11.2026 आसा.

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाचे वॅबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.

<u>प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं</u>

<u>I.दक्षता संचालनालय</u>

1. वरिश्ठ तंत्रिकी परिक्षक, प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं (Senior Technical Examiner, by Transfer on deputation) ----- 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी टप्पो : टप्पो 12 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: केंद्र /राज्य / केंद्र शासीत प्रदेश सरकारा खाला आशिल्ले अधिकारी:

(i)नेमान अनुरूप पद धारण करपी ; वा

(ii) वेतन मॅट्रिक्स स्तर-11 स्तराचेर संबंदीत श्रेणींत पांच वर्सां नेमान सेवा पूर्ण केल्ली आसूंक जाय, तशेंच थेट भरती जावप्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आसूंक जाय, ती म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नागरी अभियांत्रिकी वा बांदकाम अभियांत्रिकीची पदवी.

2. तंत्रिकी परिक्षक, प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं (Technical Examiner, by Transfer on deputation) -- 2 पदा (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी टप्पो : टप्पो 11 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: केंद्र /राज्य / केंद्र शासीत प्रदेश सरकारा खाला आशिल्ले अधिकारी:

(i) नेमान अनुरूप पद धारण करपी ; वा

(ii) वेतन मॅट्रिक्स स्तर-10 स्तराचेर संबंदीत श्रेणींत तीन वर्सांची नेमान सेवा, वा वेतन मॅट्रिक्स स्तर- 8 स्तराचेर संबंदीत श्रेणीत पांच वर्सांची नेमान सेवा, वा वेतन मॅट्रिक्स स्तर- 7 स्तराचेर संबंदीत श्रेणीत आठ वर्सांची नेमान सेवा पूर्ण केल्ली आसूंक जाय, तशेंच थेट भरती जावप्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आसूंक जाय, ती म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नागरी अभियांत्रिकी वा बांदकाम अभियांत्रिकीची पदवी.

II.भौशीक भलायकी खातें

थेट भरती वरवीं

A. गोंय वैजकीय महाविद्यालय

1. सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in) :

(i) वैजकीय गॅस्ट्रोएण्टेरोलॉजी (Medical Gastroenterology) ..... 2 पदां (1 पद अनारक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गिंया खातीर)

(ii) सर्जिकल गॅस्ट्रोएण्टेरोलॉजी (Surgical Gastroenterology) ..... 1 पद (अनारंक्षीत)

(iii) कार्डीयक ऍनेस्थेसियोलॉजी (Cardiac Anaesthesiology) ..... 4 पदां (1 पद अनारक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गिंया खातीर, 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर, 1 पद अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक [(ईडब्ल्यूऍस)]

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो अधिनेम क्र. 102) च्या कलम 13 पोट- कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत (डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो 1 वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

टीप: तीन वर्सां कालावधीची डॉक्टर ऑफ मॅडिसीन(डी.एम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजियाची (एम.सीएच) पदवी, उमेदवारांक पात्रताय पदवी मेळळया उपरांत अणभवाची गरज आसची ना.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

2. शारिरीक वैजकी आनी पुनर्वसनांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Physical Medicine and Rehabilitation) …….. 1 पद (दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत आसा) (आयकुपाची विक्लांगताय आनी उणें आयकप)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956(1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंत व्याख्यातो म्हूण वा तत्सम अध्यापन पदाचेर संबंदीत विशेशतायेंत किमान तीन वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

B.भलायकी सेवा संचालनालय

1. जैव रसायनशास्त्रज्ञ (Biochemist)) ..... 2 पदां (1 पद अनारक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गिंया खातीर)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मुख्य विशय म्हूण जैव-रसायनशास्त्रांत एम.एस.सी.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– (i) मान्यताय प्राप्त संस्थेच्या जैव रसायनशास्त्र विभागांत जैव-रसायनीक कामांचो अणभव. (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

2. सहयोगी प्राध्यापक: (Associate Professor in:)

a. वैजकीय सर्जिकल नर्सिंग (Medical Surgical Nursing) …… 1 पद (अनारक्षीत)

b. मिडवायफरी आनी ओबस्टेट्रीकल नर्सिंग (Midwifery and Obstetrical Nursing) …… 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी: वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) संबंदीत विशेशतायेंत नर्सिंगांत पदव्युत्तर पदवी म्हणल्यार मॅडिकल सर्जिकल नर्सिंग/बालरोग/प्रसूती/सामुदायीक भलायकी नर्सिंग/ मानसोपचारांत उण्यांत उणें 55% गूण वा तत्सम (उमेदवारा कडेन एम.फिलांत पदवी आसली पूण वयली पात्रताय शिथील करचे नात).

(ii) नर्सिंगांत पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त नर्सिंग कॉलेजींत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो शिकोवपाचो अणभव, तातूंत अपेस आयल्यार मान्यताय प्राप्त स्कूल आनी कॉलेज ऑफ नर्सिंग महाविद्यालयांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो शिकोवपाचो अणभव.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: - (i) एम. फिल वा नर्सिंग, वर्तनी शास्त्र वा शिक्षणांत पदव्युत्तर पांवड्या भायर मान्यताय मेळिल्ली पदवी वा उमेदवाराची स्वतंत्र संशोधन कार्य करपाची क्षमताय दाखोवपी कार्य उजवाडायिल्लें आसूंक जाय

(ii) महाविद्यालयांतल्या कार्यावळींत वा मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांत क्लिनीकल शिकोवपांत दोन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(iii) मान्यताय प्राप्त नर्सिंग मंडळांत नोंदणी केल्ली आसूंक जाय वा अशे नोंदणी खातीर पात्र आसूंक जाय.

(iv) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

3.ट्यूटर (Tutor) ..... **25 पदां (3- अनुसुचीत जमाती, 7- हेर मागास वर्गियां खातीर, 2- अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक (ईडब्ल्यूऍस) 13 पदां - अन- आरक्षीत) 25 पदांतल्यान 1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो, ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)**

टीप : जरी शारिरीक दिव्यांगत्व श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार सामान्य श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.

वेतन श्रेणीः सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नर्सिंग विशयांत मास्टर्स पदवी आनी नर्सिंग विशयांत पदयुत्तर पदवीधर उमेदवार जरी उपलब्ध नासल्यार, मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नर्सिंग विज्ञानांत पदवीधर/ विज्ञानांत पोस्ट बेसीक बॅचलर पदवी आनी तीन वर्सांचो अणभव, जातूंत एक वर्स नर्सिंग स्कुलांत/ कॉलेजींत शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक - मराठीचें गिन्यान.